**हिंदी सृजनोत्सव 2023- युवा प्रतिभा सुवाळो जालो**

ता. 15 सप्टेंबर 2023

मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेन हिंदी दिसानिमतान आयोजीत "हिंदी सृजनोत्सव 2023"-युवा प्रतिभा सुवाळो आयज दबाजान जालो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं सुवाळ्याचे उक्तावण जाले. कार्यावळीक हिंदी साहित्य क्षेत्रातल्यो नामनेच्यो कादंबरीकार आनी साहित्य अकादमी पुरस्कार जैतिवंत श्रीमती अलका सरोगी ह्यो मुखेल उलोवपी म्हूण सुवाळ्या उपस्थित आशिल्ल्यो.

सुवाळ्यात उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राष्ट्रीय पांवड्यार करिअर घडोवपा खातीर हिंदी भाशा म्हत्त्वाची आशिल्ल्याचे सांगून हिंदी अनुवादकांची गरज पुर्ण करपा खातीर गोंय सरकार आनी भारत सरकारच्या संशोधन विभागामदी समजीकाय कबलात केल्ल्याचे सांगलें. डॉ. सावंत हांणी सगळ्या उपस्थितांक हिंदी दिसाची परबीं दिवन हिंदी भाशेंच्या प्रोत्साहनाखातीर हिंदी सृजनोत्सव उपक्रमाचो नक्कीच बरो फायदो जातलो अशें तांणी सांगलें.

श्रीमती अलका सरोगी हांणी मनशाक आपली भावना व्यक्त करपाखातीर भाशा म्हत्त्वाची आशिल्ल्याचें सांगून खंयचीय भाशा समृध्द जावपा खातीर त्या त्या भाशेतल्या साहित्यात वाड जावपाची गरज व्यक्त केली. श्रीमती अलका सरोगी हांणी हिंदी दिसा निमतान उपस्थितांक परबीं दिवन भाशीक संस्कृतीचो वारसो मनोवपाक प्रोत्साहन दिले.

हिंदी दिसानिमतान संस्थेन गोंयच्या म्हाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांखातीर भजन गायन, कविता सादरीकरण, निबंध लेखन, वक्तृत्व, स्कॅच मेकिंग, डिक्टेशन अशां तरेकवार सर्तींचे आयोजन केला. ह्या वेळार सर्तीतल्या जैतिवंत विद्यार्थ्यांचो इनामां भेटोवन सन्मान केलो.

सुवाळ्यात डॉ. मोग्दालिन डिसौझा हांच्या "उषा प्रियमवाद का कथा साहित्य: समाजशास्त्रीय अध्ययन" ह्या पुस्तकाचे प्रकाशन जाले.

नामनेच्यो लेखिका श्रीमती जयश्री हरमलकर, संस्थेचे अध्यक्ष श्री दशरथ परब, वांगडी सचीव श्री मिलिंद माटे, डॉ. आशा गेहलोत आनी हेर मानेस्त कार्यावळीक उपस्थित आसतले.

अर्चना गायतोंडे हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले जाल्यार संस्थेचे वांगडी सचीव मिलिंद माटे हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/730

---


Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.